# कवितेंत उकतें जाल्लें कोंकणी कवयित्रींचें भावविश्व

**डॉ. वृषाली मांद्रेकार**

कविता निराकार, निर्जीव पदार्थ, भाव आनी विचारांक साकार सजीव रूप दिता. संस्कृत काव्यशास्त्रांत 'शब्दार्थो सहितौ काव्यम्' अशें भामहान म्हळां. हाचो अर्थ - शब्द आनी अर्थाचो संयोग म्हळ्यार काव्य. पूण कवितेंत फकत शब्द आनी अर्थ हांचो संयोगूच जाता अशें न्हय. तांतूंत इतिहास दर्शन आनी हेर शास्त्रांचो आसपाव जाता. इंग्लीश कवी वर्डस्वर्थ कवितेची व्याख्या करतना अशें म्हणटात - Poetry is a spontaneous overflow of powerful feelings. It takes its origin from emotions recollected in tranquility. कविता म्हळ्यार उत्कट भावानुभूतिचो सहज उद्रेक. हो स्त्रोत मनाचे धादोसकायेचे अवस्थेंत यादींच्या रुपांत काळजांतल्या आवेगांतल्यान प्रस्फुटित जाता. हे व्याख्येचेर समीक्षक असो आक्षेप घेतात की अशे तरेन प्रस्फुटित जाल्लें सगळेंच काव्य आसना; कला, अभिव्यक्तिचे तांकीचो कवितेचेर प्रभाव पळोवंक मेळटा. आनी केन्ना केन्ना काळजांत आशिल्लें अणभवाचें जाळें उतरांनी उकतावपाक येताच अशें ना,

चेम्बर्स कोशांत कवितेची व्याख्या अशे तरेन केल्या - Poetry is the art of expressing in melodious words, thoughts which are the creations of imagination and feelings. म्हळ्यार, कल्पना आनी अणभवांतल्यान परगटपी विचारांक म्होंवाळ उतरांनी परगटावपाची कला म्हळ्यार कविता. अणभव, कल्पना आनी विचार हीं तत्वां कविते खातीर गरजेचीं आसात म्हणपाचें हे व्याख्ये वयल्यान दिसून येता. कवितेंत हेर तत्वां परसय भावतत्वांक विशेश म्हत्व आसा. भाव कल्पनेचे प्रेरक आसतात. छन्द आनी उतरांच्या प्रवाहाच्या रुपान ते अभिव्यक्त जातात. हीच अभिव्यक्ति कवी कवयित्रीच्या काळजांतले भाव दुसऱ्यांल्या काळजांत जागृत करतात. म्हणुनूच कवितेंत कल्पना, विचार, उतरां आनी अर्थ ह्या तत्वां परस भावतत्व श्रेष्ठ थरता.

कोंकणी कवितांनी हें भावविश्व मुखेलपणान तीन पांवड्यांचेर उकतें जाल्लें दिसून येता - सैम, प्रणय (मोग) आनी संघर्ष. हांगा हांवें - १९७३ ते १९९४ ह्या कालखंडांत प्रकाशित जाल्ल्या ह्या कविझेल्यांचो आसपाव केला -

१) विजयाबाय सरमळकार - **गोटलां** - १९७३
२) हेमा नायक (संपा.) **अप्रूप** - जून - १९८५
३) वत्सला मंजुनाथ राव - **फुलां माळा** - मे - १९८६
४) नीला तेलंग - **काळजाची भरती** - मे - १९८८
५) वत्सला मंजुनाथ राव - **काव्यधारा** - १९८८
६) शांती प्रभु तेंडुलकार - **मोगऱ्यांआटी** - सप्टेंबर - १९८९
७) माया खरंगटे - **कयपंजी** - डिसेंबर - १९८९
८) आशा मणगुतकार (संपा.) - **आंकूर** - १९९१
९) अमिता सुर्लकार - **अमिताच्यो कविता** - १९९३
१०) नूतन साखरदांडे - **जीण जाली कस्तुरी** - १९९४

प्रत्येक कवयित्रीन एक दोन कविता सैमाचेर रचल्यात खऱ्यो, पूण मोग आनी घरसंवसाराच्यो कविता ह्या झेल्यांनी चड प्रमाणांत आसात हें मान्य करचें पडटा. सर्गेस्त विजयाबाय सरमळकार सैमाचें मनभुलवणें रूप, *रात, पावस, पुनवेची रात* ह्या कवितांनी सैमाच्या घडणुकांक तरांतरांची प्रतिकां वा उपमा दिवन वर्णन करता. देखीक, मिर्गाची सुलूस लागना बराबर गिमरुपी जुनेर सोडून सालू न्हेशिल्ली धर्तरी ती बिम्बरुपान आनी मानवीकरण करून चित्रीत करता.

अशें म्हणटात की बायलांच्यो संवेदना कवी उकतावंक लागता तेन्ना तो कल्पनेचो वा दुसऱ्याच्या अणभवाचो हात धरता. पूण कवयित्री कोणाच्याच भावभावनांचो आदार घेना आसतना खासा आपणें भोगिल्लें वास्तव अणभवविश्व लिखणेंतल्यान परगटायता. अणभवाचें प्रामाणिकपण आशिल्ल्यान तांचें भावविश्व वास्तव जाता. तें सदांच उत्कृष्ट आसताच अशें ना. विजयाबायची 'सांग गो केन्ना साखरपुडो' ही कविता मेजक्याच उतरांनी साखरपुडो जाल्ले चलयेच्या मानसिक भावनांचें आंदोलन हाताबोटांचे क्रिये वरवीं व्यक्त करता -

*दाखय लिपय करता गुपीत*
*बोटांकडेन चाळो करीत*
*मुदयेंतलो सांगता खडो*
*काल जालो साखरपुडो।*

यादी येवन ओगीच हांसपी वोंठ, पालशी नदर, बोट चाबप, दोळ्यांतले रस्मी भाव व्यक्त करपाक विजयाबायन घेतिल्ले

अणभव उतरांचो साज चडोवन हांगा अचळय देंवल्यात अशें दिसूंक लागता.

चलयेच्या जिवितांत 'ता'चें येवप केन्ना पारजताचें फूल, सतारीची तार, दिवलेंतली जोत जावन तर केन्ना आदार दिवपी मायेची सावळी जावन. पूण जेन्ना तो घोव जाता आनी भायर वता तेन्ना जिवाची जाल्ली घालमेल, बाविल्ली उमेद, दोळ्यांतलीं दुखां, सुकिल्लो हांसो तिची उमेद ना करतात आनी भरीक भर म्हूण जेन्ना रुखाकुशींत रिगिल्ले वेलीक ती पळेता तेन्ना आपूण एकलीच आसा, आपणाक रुखा सारक्या घोवाचो आदार ना, म्हूण तिका दुःख जाता. *'आयज तुं येतलो देखून'* कवितेंत घोव वतनाचें भावविश्व चित्रित जाता तेन्ना र.वि. पंडिताचे *'आयज तू येतलो देखून'* हे कवितेची याद जाले बगर रावना.

**आंकूर** कवितांझेल्यांतली दीपा पैची कविता *'झाड'*, *'गुलमोहर'* हीं प्रतीकरुपां घेवन मनांतल्यो व्यथा चित्रित करता. करुणा पाडगांवकार *'पावसागीत'*, *'रात'* ह्या कवितांनी निसर्गाची तरातरांचीं चित्रां रंगयता.

*'रुख दवल्ले कोणें सजोवन*
*वारो खेळटा वेंगेवेंगेन*
*नवी व्हंकल कशी हांसता*
*कांकणा' वाजयत लजेलजेन'* (**अप्रूप** २४)

पावस पडले उपरांत धर्तरी नवे व्हंकले भशेन सोळा श्रृंगार चडयता. तशेंच मानवीकरण करतना तिच्यो भावभावना हांसपाच्या आनी लजपाच्या रुपान परगटायता.

नीला तेलंगाक दिसता, सैमा मुखार मनीस ल्हान. सैमाच्या बरपा मुखार आपणालें बरप कनिष्ट असो भाव तिचे कवितेंत आयला -

'निळ्याच मळबाच्या कागदार बरयिल्लें
पाचव्याच पानांचें बरप वाचतगच मात
म्हाका म्हजीच काकूयट दिसता.'

आयच्या शिकिल्ल्या सवरिल्ल्या आधुनिक समाजांतूय अंधविस्वास आसात, जोगलां बद्दल आशिल्लो असोच एक अंधविस्वास, म्हळ्यार, जोगूल गायरींत पडलें जाल्यार शेणाचें भांगर जाता. हाचो सुंदर उपेग नीलाबाय आपणाले *'जोगूल'* कवितेंत करता. जोगूल पडले उपरांत सगळें नश्ट जाता. पूण धर्तरेची हों‍ट गायर आसली जाल्यार तांतूंत भांगर भरूंक जाता. ही एक वेगळी नदर हे कवितेंत दिसून येता. सैमांतलीं फुलां, पानां नखेत्रां, दर्या, दोंगर, मळब हेय परस एक वेगळेंच तरेचें भावविश्व नीला तेलंगाचे कवितेंत पळोवंक मेळटा.

काळखाच्या झाडार इल्ल्याश्या काजुल्याच्या रुपान पुनवेचें सपन फुलता (*काळखाचें झाड*). माया खरंगटे ही कवयित्री सामाजिक बांधिलकी सांबाळून काळजांतले उमाळे उकतायतना दिसता. *'काजुलो'*, *'कड'*, *'वारेबाब'*, *'व्हडें'*, *'माती ही माती'* ह्यो कविता सैमाचीं विवीध रुपां रंगयतना संवसाराच्या सुखा दुःखांची जाणविकाय करून दितात. चिकट आनी तांबडी माती झाडा मुळा घट्ट धरून दवरतात. तर रेंवट जमनींत झाडां वाऱ्यान हुमटून पडटात. हें तत्वगिन्यान *'माती ही माती'* कवितेंत व्यक्त जाता, जाल्यार वाऱ्याचे जिवघेणे खेळ *'वारेबाब'* हे कवितेंत मांडटा आसतना 'देंठ तरी म्हाका दवर' हेंच कवयित्री सांगता.

आवयन लगीन केल्ल्या चल्याक सुने कडेन सोंपोवपाची 'नवी नदर' आयच्या आवयांनी आपणायली जाल्यार दुदांत साकर पडिल्ले भशेन संवसार सुखाचो जातलो. *'नवी सून'* हे कवितेंत चलयेच्या रुपान घरांत आयिल्ले सुने कडेन आपलो पूत सोंपोवन ती म्हणटा -

*'ल्हान व्हड केल्लो चलो*
*ओंपतां तुका आज*
*सांबाळ ताका चडतना*
*संवसाराची पाज'* (**गोटलां** २५)

संवसाराची पाज चडटना चल्याक सांबाळ म्हणटना सुनेचेर आशिल्लो मांयचो विश्वास आनी सुनेची संकटा कडेन चार हात करपाची तांक मांयक होलमल्या हाची जाणीव वाचप्याक जाता. *'लागली तिका गोड सुलूस'* हे कवितेंत 'आवय' जावपाची गोड सुलूस विजयाबाय सरमळकारान जितले वास्तवतेन आनी संवेदनशील मनान व्यक्त केल्या ती वाचनाफुडें प्रत्येक आवयक आपणालें आवय जावप दोळ्यां मुखार येवंक जाय. -

*'लसलसून आयल्यो वैर*
*उमाळ्याच्यो म्होव्यो झरी*
*ओंटा जोड फुरफुरता*
*कोणाक गुपीत सांगचें तरी'*

पूण हें सांगतनाच वास्तव खंय तरी काळजांत घर करून आशिल्लें दिश्टी पडटा. वंशाचो दिवो चल्याच्या रुपान पळोवपाची लागिल्ली आस हेंच सिद्ध करता की चल्या बगर वंशावळ वाडीक लागना. ताचे बगर आपणाक पुण्य ना अशेंच खंय तरी काळजाच्या गाभाऱ्यांत आशिल्लें पळोवंक मेळटा.

दोन बायलांनी - राधेन आनी मीरेन एकट्याचेर - कृष्णाचेर केल्लो मोग आनी सर्वस्वाचो त्याग करून जी मोगिका चड मोग करता तिचे बद्दलचो दुसरे मोगिकेच्या मनांत आशिल्लो एके तरेचो दुस्वासाचो भाव - भूतकाळांतलें हें भावविश्व दोळ्यां मुखार दवरून नीलाबाय म्हणटा *'आज कळटा तांच्या फाटलें जळप'*. हांतूंत मोगिकेच्या जिवाची जाल्ली घालमेल आनी तांच्याच काळजांत आशिल्लो ऊंचेल्या, देवदेवतेच्या पांवड्या

वयलो मोग हाची जाणीव जाता.

पयशा परस मोगाचें मोल चड मानपी मोगिकेचो मोग न्हयकारून दुसरे इश्टिणीच्या गळ्यांत माळ घालून तें पयशे मोडपाक फाटीं फुडें पळेना अशें म्हणपी मोगी तरनाट्याक. तिच्या मोगाची प्रखरताय, खोलाय आनी निःस्सिम त्याग जाणवलो ना. दुसरे कवितेंत मोगा मुखार मोगिकेक पयसो गिरेस्तकाय, गाडी बंगलो पदाचें व्हडपण दिसना. तिका मोग्याचे वेंगेंत एकठावलें जग म्हत्वाचें दिसता. आयच्या भौतिक युगांत सगळें जग पयशा मुखार, इश्ट इश्टिणी, ममता-मोग कस्पटा समान मानता. पूण नीलाबायन मोगाक म्हत्व दिवन अशें दाखोवन दिलां की आयज ह्या आपस्वार्थी जगांतूय नैतिक मुल्यांक म्हत्व आसा - वयार येवपी चली आनी तिच्या मनात आशिल्ली तरांतरांच्या भावनांची खळबळ, सुंदर चलयांनी पळेल्लीं निळीं सपनां, पूण खिणाभरयांत वास्तवाची याद जातकूच हुस्कार सोडीत नीला म्हणटा, तीं केन्ना कोण पिसडीत कोणाक खबर! सोबितकायेक खंय श्राप जल्मभर - शांती प्रभु तेंडुलकार ही कोंकणी मळा वयली आनीक एक कवायत्री. तिका सुवासीक मोगऱ्यां आटयेंतल्यान जिविताचें सत्य होलमलां. मनीस मोगऱ्या फुला भशेन एक न्हय एक दीस बावन वता. पूण आपणालो परमळ लोकांच्या काळजांत यादींच्या रुपान दवरता. घोव गेले उपरांत यादरुपी परमळ तिका जिवितांत वाट दाखयता.

**मोगऱ्यांआटी** कवितां झेल्यांतल्या कांय कवितांनी मोगाची भावनाच मुखेलपणान उकती जाल्या. मोग उकतावचे पयलींच मोगी समजलो जाल्यार ताचे सारकें भाग्यवान आनीक कोण ना, ही तारुण्य सुलभ भावना जतनायेन *'सांगचे पयली समजूंक जाय'* हे कवितेंत अभिव्यक्त जाल्या.

व्यक्ति आनी समष्टी हांचो सुंदर मेळ सगळ्यांक *'दिवो दाखयत यो'* कवितेंत दिश्टी पडटा. तूं म्हजो आसलो तरी म्हजोच म्हूण रावूं नाका, तूं सगळ्यांक दिवो दाखयत, उजवाड दीत यो म्हणपी कवयित्रीक वास्तवाची जाण आसा. मोग्यान मोगिकेन सपनेल्ल्या संवसारांत नखेत्रां चंद्राच्या राज्यांत रममाण जाय नासताना हे धर्तरेर पावल दवरून नवे उमेदीचो हावेस घेवन येवचें ही भावना 'येतलो जाल्यार' हे कवितेंत व्यक्त जाल्या.

*'आनी येतलो जाल्यार असोय यो*
*घेवन हावेस तुज्या वांगडा*
*नवे कितेय घडवपाचो*
*तरणे रगत सळसळावपी*
*खोट मारुन उदक काडपी*
*जितीं पूण मेल्ली मनां*
*परतून जितीं करपाचो.'*

अशे तरेचीं मोगाचीं विविध रुपां शांतीबायचे कवितेंत व्यक्त जाल्लीं आसलीं तरी, *'या'* ही कविता वाचप्याक एका वेगळ्याच भावविश्वांत घेवन वता. आत्मो परमात्मो हांगा एकामेकां भितर इतले एकठांय जाल्यात की तांकां कशे वेगळावचे हो ब्रह्मदेवाक प्रस्न पडला. हांगा कबीराच्या दोह्यांची याद जाले बगर रावना.

आत्मसोद घेवपी कवयित्री नूतन साखरदांडे हांची कविता नव्या युगाच्या बदलांचे आनी ताच्या परिणामांचे चित्रण करताना दिसता. हे कवितेंत वेगवेगळे विशय हाताळटना मेजक्याच उतरांनी आत्मपरक निवेदन केल्लेंय दिसून येता. एक बायल म्हूण संवसाराची पाज चडटना आयिल्ली खरस दिसून येता तशीच आपले कडेन सगळें आसून लेगीत आशिल्ली एक खंत ह्या कवितांनी जाणवता. मोग हो विशय जिणेच्या निराश सुरांतल्यान व्यक्त जाला. मोगिकेक मोगाची साथ मेळ्ळी जाल्यार तिची जीण सुखी जाता. कवयित्रीन उकते केल्ले व्यथेचे सूर तिच्या तरातरांच्या कवितांनी पळोवंक मेळटात.

१. मन म्हजें सामकें पिशें / मनातळा भोंवरेता
तुजे म्हजे मोगा बंध / परते - परते सासपिता (मन म्हजें)

२. काळजांत मोग कोणाकोणाक जाय?
आपल्याच मनशाचे घायार घाय (काळजांत मळब)

३. खंय गेले? खंय गेले? / पानां पानांतले काजुले
फांतोडेच्या पारा कोणें / सपन देऊळ मोडीलें?
(खंय गेले खंय गेले?)

४. म्हजीं दुखां म्हाका वेंग मारून आसा
तांकां पयसावचीं अशें तुका दिसना? (तू वचतसावन)

५. पावळी गळची तशी म्हज्या दोळ्यांतलीं दुखां व्हांवत रावलीं
(पावळी)

कवयित्रींनी व्यक्त केल्लीं भावचित्रां पळेत जाल्यार चडश्या कवितांनी दोळ्यांतलीं दुकां, शेणिल्ले सूर, तुजी म्हजी व्यथा, हातांतल्यान कांयच न घडिल्ल्याचें दुःख, तुटिल्लें सपन देवूळ, फुलां फुलांची सोडून काट्यां कुट्यांची आपणायल्ली वाट, काळजांतलीं दुःखां, अशीच कितेंशी जिणेंतली निर्शेणी पळोवंक मेळटा. हांवें वयर उल्लेख केला ते प्रमाण मोग्याक आनी मोगिकेक एकामेकांचो मोग मेळत जाल्यार संवसारांतलें खंयचेंय दिव्य करपाची शक्त, विश्वास आनी आंतरिक बळगें तांकां मेळटा. पूण मोगी नाजाल्यार मोगिका पयसावत जाल्यार जिणेंत निर्शेणे बगर दुसरें कांयच हाताक लागना. तरी संवसारांत चलयेमनशेक एकलें एकसुरें रावंक मेळना. आमची संस्कृताय ताका मान आनी आदार दिना म्हूण कोणा वांगडा तरी सवंग रंगोवचें पडटा.

सगळें जाणा आसलें तरी, काळजांत पिशें पांगुरचें
दोळ्यांत दुकां आसलीं तरी तोंडार हाशें दाखोवचें

अभिनय करतल्या दर एकल्या रंगकर्म्याक मनांतलें दुःख व्यथा दांबून, तोंडार अडेचो हांसो हाडून नाटक फुलोवचें पडटा. हें जिवितांतलें वास्तव कवयित्रीन हांगा अभिव्यक्त केलां. बायल जाले उपरांत फकत तितल्यारूच रावचें अशें तिका दिसना, आपूण आवय जावन स्वर्गसुखाचो धर्तरेर आनंद घेवंचो ही आस *'वाट'* हे कवितेंत नूतन साखरदांडेन उकतायल्या. झाडाचो प्रतीक रुपान उपेग करून निमणे सुवातेर *'तेवटेन तें झाड आनी हेवटेन हांव'* ह्या एकाच उतरान झाडाचे फुला खातीर आशिल्ले उमाळे आपणालेय आशिल्ल्याची जाणविकाय वाचप्याक करून दिल्या, धुवेक जल्म दिवन धर्तरेच्या रिणांतल्यान मुक्त जाल्ली आवय हांगा चित्रायल्या तशीच आयच्या धकाधुकीच्या जिवितांत नोकरी करपी आवय आपणाकच कशी विसरून गेल्या आनी ल्हानांनी व्हडल्यांक समजून घेवपाचो वगत कसो आयला हें व्यक्त करतना आवयचें संवेदनशील आनी संस्कारक्षम काळीज अभिव्यक्त जालां. चल्या मुखार सगळें व्यर्थ, चलो घरा येवंनाशिल्ल्यान आवयची जिवाची जाल्ली घालमेल कुंदा पैचे कवितेंत व्यक्त जाता आनी वाचप्याच्या काळजाक हात घालता.

बंखोर वृत्ति कवितेंतल्यान परगटायतना प्रशांती तळपणकार आनी शकुंतला आसरेकार हांच्या मनांतलो ल्हवपीक फुलपी मोग दिसून येतां शकुंतलाची *'मोनो मोग'* आनी प्रशांतीची *'म्हाका भिरांत दिसता'* ह्यो कविता देखीक घेंव येतात. प्रशांतीन गिरेस्त मोग्या विशीं गरीब मोगिकेच्या काळजांत आशिल्ली व्यथा, तो फटयत म्हुण दुबाविल्लें मन उक्तायलां. गांवगिरे भाशेचो उपेग करून ती तांक वाचप्यामुखार उक्तायल्या.

वत्सला राव तर घरांतले प्रितीक श्रेष्ठ मानून मनशाच्या रुपा परस गुणाक चड म्हत्व दिता तर सुनीता बोर्डेकार सगळीं चित्रां रंगयतल्या विधात्यांच्या मोगान पडलां. हीं मोगाचीं विंगड रुपां, तरातरांच्या उपमां प्रतिकांनी उतराच्या विविधरंगी पोडांनी गोफ विणटात आनी विणिल्ल्या गोफांत अणभवाचीं उतरां भरसून वतात.

आधुनिक युगांत संघर्शा बगर कांयच साध्य जायना. प्रत्येक पांवड्याचेर संघर्श गरजेचो जाला. कोंकणींतल्या कवयित्रींनी थोड्या प्रमाणांत हाका अभिव्यक्ति दिल्ली आसा. संघर्शाचें प्रखर, ज्वलंत रूप कवितांनी मेळटा पूण तांकां व्यथेची झालर लागिल्ल्यान संघर्शाची कीट पालवता.

**अपूप** कविताझेल्यांतली चंद्रव्वा भंडारी *'रे मनशा'* हे कवितेंत आयिल्ल्या संकटांनी दुसऱ्याचो साथ नासलो, दोळ्यां मुखार काळोख आसलो तरी मनशाक फुडें वचत रावपाक सांगता. साळीक जावन फुलतलो जाल्यार चिखलांत रावपाक शिकपाक जाय हे विचार परगटायत वायट परिस्थितींतल्यान वयर सरपाची जिद्द मनशाक आसूंक जाय. तशेंच वायटांतल्यान वायट जल्माक येना, तर सुंदर सोबीत फूल जल्माक येता अशी परिपूर्ण अभिव्यक्ति कवयित्रीन केल्या.

*'नव्या युगाक नवी देग'* ही विजयाबायची कविता नव्या युगांत पावल दवरपा खातीर सोरपा भशेन पोरनी कात सोडून नवे उमेदीन नव्या युगाक येवकार दिवचो पडटलो हो काळानुरूप बदलपाचो संकेत दिता.

शांती प्रभु तेंडुलकाराचे *'अच्छेव'* हे कवितेंत काळजांत पेटपी वातीन संकेत दिला की खंयतरी अन्याया आड लडपाची इत्साशक्त आजून आमचे भितर आसा. दर्यांत उडी मारतल्यान जिवाची पर्वा करी नासतना ती मारची. आनी *'नाचयतले आमी'* हे कवितेंत समाजांत आयिल्ल्या बदलाची सुलूस मेळटा. - पारतंत्र्यांत तुमी आमकां नाचयलीं पूण आतां आमी आगच्या तालार नाचपाचो वेळ आयला, आतां आमी स्वतंत्र आसात ही भावना उक्तायल्या -

*पूण मतींत धरात हो ताल आमी केन्नाच सोडला*
*आतां आमी नाचतलेच*
*आनी तुमकांय नाचयतले*
*आमच्या तालार*
*फक्त आमच्या तालार*

(**मोगऱ्यांआटी** - *नाचयतले आमी* - ५४)

आयज बायल जागी जाल्या. संदर्भानुसार तिका परिवर्तन करचें पडलां. सीता, अंबालिका, अहिल्येच्या रुपान तिका आयिल्लें देवत्व आयचे बायलेक नाका. तिका नवे काळानुरूप बदल करून दाखोवपाची उमेद आसा म्हणूनूच कवयित्री म्हणटा -

*'ही जागी जाल्ली आयची बायल*
*देवपण घेवंक, फुलांत घुस्मटत*
*देवाऱ्यांत बसून रावचिना.'* (**कयपंजी** - ३१)

आयज चलयां भितर आत्मविश्वास आसा आनी ते खातीर मुखार सरपाची जिद्द दिसून येता. पयलींच्या काळांत चलयेक आवय बापायन वा घरच्या जाणटेल्यांनी पसंत केल्ल्या चल्या कडेन लगीन जावचें पडटालें. पूण आयज कवयित्रीक तशें दिसना. फातराक आपूण वेंग मारचिना हो आत्मविश्वास ताका जाला -

ना जायत म्हाका तांक
चंद्रीम आनी सूर्या आपणावंक
म्हणून किते वेंग मारूं फातरांक

(**काळजाची भरती** २०)

अमिता सुर्लकाराचे 'जुजे नेणार' हे कवितेंत बापायन घेतिल्लें

रीण फारीक करताना जुजेच्या तोंडा वयलो ना जाल्लो हांसो आनी जुजेचो पोसो रितो करून भाटकाराच्या ओंठार फुलिल्लो हांसो शोषक आनी शोषित हांच्या संघर्शाची जाणीव करून दिता. कार्ल मार्क्साच्या विचारा प्रमाण जर देशांत समानताय हाडूंक जाय जाल्यार हो वर्ग संघर्ष कमी जावंक जाय, आपणें स्वतः केल्ल्या श्रमाचें फळ मेळना तेन्ना खरेंच मनशाची काकूळट दिसता. गरीब आशिल्लो गरीबच उरतलो हाची जाणविकाय जाता.

अमिताची 'मानेऱ्याची व्यथा' हीय बी अशीच एक कविता. दुसऱ्यालीं बरीं बरीं घरां बांदून शेवटाक तांकां घर गावलेंच ना - हांगा हिंदी कवी निरालाचे 'वह तोडती पत्थर' कवितेची याद जाता. ती श्रमिक बायल कश्ट करता, रस्ते बांदता, पूण तिका सुख-सुविधा मेळनात. तशेच तरेन हांगा मानेरी घरां बांदतना कश्ट करतात पूण तांकां घर मेळना. हें तांचें दुर्दैव न्हय जाल्यार आनीक कितें? वर्णभेद-वर्गभेद हे सनातन प्रस्न सदांच संवसाराक लागिल्लें गिराण कशे. सकयल्या जातींचेर अन्याय जायत आसा आनी हांतुंतल्यान संघर्ष उत्पन्न जाता. म्हूण कवयित्री सांगता, कितलेंय सोंसलें तरी अन्याय जातलोच. पूण तुमी आपणाक उणीं, उणाक मानूं नाकात. रेब्यांत जल्म घेतिल्लें साळीक पसून आपलो परमळ पातळायताच आनी पांय घट्ट रोंबून तकली वयर दवरता. तुमीय बी आपणाक उणाक लेखी नासतना मान वयर काडून उबे रावात.

शकुंतलाचे कवितेंत क्रांतीची भास आयकूंक मेळटा - मनीसपणा खातीर समाजांतली घाण ना करपा खातीर कोनसो कोनसो नितळ करपाचो हावेस उकतो जाता -

*देखून आमी पेटयल्या*
*गर्भकुडीन भट्टी*
*लासून-लासून लायला*
*तांतूंत एक तांबडो दिवो*
*सोंस सोंस सोंसलें आमी*
*आतां मात झुजतले*
*कोनसो तुमचो उस्पितले*
*नीतळ जावन सोपतले.*

दादल्या सारको दादलो आसून , षंढासारको वागता कित्याक अशे प्रस्न विचारीत प्रशांतीबाय ज्वलंत विचार उक्तायता आनी रगतार पोसपी किड्यांक पांयां सकयल चिड्डुपाची इत्सा परगटायता.

गोंयचे, भारताचे मुक्तीचेरूय कांय कविता मेळटात. विजयबाय सरमळकारांली सुटकेची उमळशीक आनी जवाहराच्या खऱ्या जाल्ल्या उतरांनी भोगपी खोस, आडमेळ्याच्या सुटिल्ल्या पासां खातीर लोकांक मेळिल्ली मुक्ती ह्यो भावना कवितेंत अभिव्यक्त केल्यात.

नूतन साखरदांडेची *'माध्यान राती पेटले दिवे / अंतर्मनां परजळ्ळीं / पांजऱ्यांतले प्राण पारवे / सुटले सगळे जळींमळीं'* हीं प्रतिकात्मक कवितेंतलीं उतरां मध्यानराती मेळिल्ली मुक्ती आनी बंदपास तोडून भायर सरिल्ले पांजऱ्यांतले प्राण पारवे रुपी मनीस आनी तांची खोशी उकतायता.

*ती एक वावराडी* (जयंती नायक) आनी *लक्षीम* (अमिता सुर्लकार) ह्या दोनूय कवितांनी सकयल्या वर्गांतले बायलेचेर जाल्लो अन्याय अभिव्यक्त केला. भरो माथ्यार घेवन वचपी वावराडी, सून म्हूण घरांत आयिल्ली चली, पूण तिका घोवान आनी घरच्यांनी आपणायली ना. जाल्यार लक्षीम घोवा खातीर सगळे त्रास सोंसपी, कामां करपी बायल. घोव मेले उपरांत विधवेचें उकतें कपल दोळ्यां मुखार येता आनी ती विरोध करता, ज्या घोवान जितेपणीं केन्नाच सूख आधार दिलो ना तो मेले उपरांत मात तिच्या मोगाचो आनी कुकमाचो धनी थारता, हो विपर्यास, विरोधाभास तशेंच बायलेन कश्ट करून आपणाचें पोट भरून घोवाचे पोट भरिल्लें आसल्यारूय घोव तिच्या कुकमाचो आधार ही अभिव्यक्ति कवितेंतल्यान जाल्या.

जाणटेल्यांचें दायज मोडून नवी वाट घडोवपाक माया खरंगटे क्रांतिकारक कवितेंतल्यान फुडें सरता -

*जाण्टेल्यांचें मोडून दायज / वाट नवी घडयतले आयज*
*क्रांतीचो घेवन सोपूत / दोंगरांतल्यान माल्ली उडी*

पूण ही क्रांती मुखार वचना. वझरो न्हंयंत पावतकच खाऱ्या उदकांत विरघळपाचो निर्शणेचो सूर कवितेंतल्यान अभिव्यक्त जाला.

नीला तेलंगाचे *हातो* हे कवितेंत तरांतरांच्या संकटांतल्यान भायर पडले उपरांत जर बरें फळ मेळपाचें आसा जाल्यार संकटां झेलपाची शक्त आसा म्हणपाचें उकतायलां. तशेंच रगत आटोवन, खरस काडून देंविल्लो घाम पावस जावन रकलो आनी दर्या जावन धुडगूस घालपाक लागलो ह्या आशयांत भाशेची प्रतिकात्मकता, सूचक उतरांनी व्हडलें भावविश्व उभारपाची तांक दिसून येता. कश्टकारी वर्ग जर मनांत हाडिल्लें करीत जाल्यार सड्यार नंदनवन फुलोवपाची तांक तांचे भितर आसता. हेंच हे कवितेंतल्यान प्रगट जालां.

अशे तरेन कोंकणी कवयित्रीच्या भावविश्वांत सूक्ष्म अणभवांक संवेदनशील भाशेंतल्यान उकतावपाची तांक दिश्टी पडटा. नीला तेलंग पयले कवितेंत आपणाल्या भावविश्वाचें खाशेलेपण सांगून मेकळें जाता. दोन दोळ्यांनी अणभविल्ले अणभव जेन्ना काळजांतल्यान एक वेदना, पिडा जागयतात आनी तेच बरपांत फांफुडले की कविता जाता अशें 'बरप' ही कविता सांगता.

कवी म्हणटा तो आनी वेगळो आसता. *वियोगी होगा पहला कवि, आह से उपजा होगा गान* हीं हिन्दींतलीं उतरां आनी नीलाबायच्यो संवेदना एकाच पांवड्याचेर व्यक्त जातात. अशेच तरेची कवितेची निर्मणी सांगपी ('युवांकुर' पयलें इनाम मेळिल्ली) बाय हेमा जुवारकाराची कविता.

कोंकणी कवितेंतलें कवयित्रीचें भावविश्व पळोवन धादोसकाय भोगता तशेंच मन केन्ना-केन्ना खंती जाता.

सन् १९८५ शांत 'अप्रूप' कवितांझेलो उजवाडा आयले उपरांत १९९४ मेरेन तीन कवयित्रींचे कवितांझेले उजवाडाक आयले. पूण बाकीच्यो बारा कवयित्री आजुनूय तांचे भितर आशिल्ले प्रतिभेचो वापर करून चंवरून फुला फळाक आयिल्ल्यो दिसनात. आनी जांचो एक कवितांझेलो 'पयलो चंवर'च्या पालवान प्रकाशित जाला तांचो दुसरो कवितांझेलो पळोवंक मेळना. कोंकणी वाचकविश्व तांकां उमळशिकेन रावता.

थोड्या कवयित्रींच्यो त्योच कविता 'ऋतु' आनी तांगेल्या कवितांझेल्यांत उजवाडाक आयिल्ल्यो पळोवंक मेळटात. देखीक, *याद चंवरल्या* ही माया शेल्डेकार (खरंगटे) हांची कविता - अप्रूप - ८५, ऋतु - ८८ आनी तांच्या कविताझेल्यांत अशी तीन खेपो वाचूंक मेळटा. अशे तरेची पुनरावृत्ती आतां तरी टाळची आनी आपणा भितर आशिल्ली प्रतिभारुपी ताजीं टवटवीत फुलां वाचप्यांक दिवंचीं अशें म्हणन दिसता.

दर्या, मळब, धर्तरी, चंद्र, सूर्य, नखेत्रां ही प्रतिकां आतां संवकाळीची जाल्यात. नव्यो उपमा, नवीं प्रतिकां कवितांनी आपणावचेली गरज आसा. हिन्दींत 'चाँद का मूँह टेढा है' सारको कवितांझेलो १९६४त आयिल्लो दिसता. खुबश्यो प्रतिमा, उपमा दोन-तीन कवयित्रींच्या भावविश्वांत समान पांवड्याचेर आयिल्ल्यान कवितेंत फरक जाणवना. साळकाची उपमा निम्नवर्गा खातीर आपणायल्ली दिसता. पांजऱ्यांतले प्राण पारवे आनी बंदिस्त सवणीं हीं प्रतिकां बंदिस्त पारतंत्र्यांत जगप्यांचें व मुक्ती उमाळे उकतायतात. कुपाळ मळब जावं नाजाल्यार काळें कूप, मळबायेदें दुःख जावं नाजाल्यार मळबायेदो आधार जावं, मोगऱ्यांची आटी जावं नाजाल्यार पारजतांचीं फुलां जावं अशीं तींच तींच रुपां आपणायनासतना कवयित्रींनी नवी वाट सोदपाक जाय. नव्या छंद अलंकारांनी सजिल्ले कवितेचो हावेस कवयित्रींनी पुराय करचो.

पौराणिक, अध्यात्मिक, ऐतिहासिक संदर्भ घेवन बरयल्ल्यो थोड्यो कविता कोंकणींत मेळटात. पूण अश्वत्थामा, राम-सीता, रावण, द्रौपदी, कर्ण हांचो आधुनिक काळांत नव्या प्रतीक रुपान वापर जाल्लो मेळना.

फॅण्टसी शिल्पाचेर आधारीत कविता पळोवंक मेळनात. हिन्दींत गजानन माधव मुक्तिबोधा सारके कवी ह्या शिल्पाचो उपेग 'अंधेर में', 'ब्रह्मराक्षस का शिष्य' ह्या कवितांनी मुक्ती उपरांतच्या काळांत करतात.

व्यंग्य कविता, गजल, ह्या प्रकारांनी कोंकणी काव्यविश्व फुलोवंक जाय.

वर्णसंघर्श, वर्गसंघर्श, सामान्यांतले सामान्य विशय कोंकणी कवितेंत येवचे आसात. लोकगीत परंपरेचेर आधारीत कविता मेळनात. तशेंच प्रादेशिक भाशेचो उपेग कोंकणी कवितांनी व्हडलोसो जाल्लो दिसना.

तरी *'मळब दिसता तुका म्हज्या दोळ्यांत*
*तुका खबर ना दिसता*
*दर्यो लिपयला हांवें काळजांत'*

**(काळजाची भरती** २२)

अशे तरेची भाशेची तांक. तीन वळींनी दर्यायेदीं दुःखा पचोवन, असीम मळब दोळ्यांत हाडून सुख दिवपी कवयित्रीनी कोंकणी कवितेच्या मळार आजुनय फुडें वचूं येता हो हावेस काळजांत दवरुंया.

❀❀❀

## विचारधारा

आचार-विचारांत एकचार हाडप हें सुल्तानाचें सपन; राजकर्णाच्या वा धर्माच्या मळावेल्या हुकूमशाहांचें ध्येय. विद्यापिठान सपन पळोवंक जाय, मेकळ्या मनांत मेकळे विचार फुलूंक फळूंक दिवपाचें. खास अधिकारांक राखण दिवप वा आचार - विचारांत एकचार हाडूंक वावरप ह्या गजालींचो विद्यापिठा कडेन इल्लोय संबंद ना. विद्यापीठ फकत बुद्धीचे उचांयेक वा आध्यात्मिक व्हडपणाक लागून आयिल्ल्या अधिकारांक लेखता; दुसऱ्या कसल्याय खास अधिकारांक तें विरोध करता, एकचारायल्ल्या आचार-विचारांकूय तें विरोध करता, जण एकल्याक आपणाले विचार, आपणालीं मतां घडोवपाचो अधिकार आसता, देखून विद्यापीठ ही चिंतकांची संस्था, मेकळेपणाचें कुळार तें.

**सर्वपल्ली राधाकृष्णन**